आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा

**10 .04.2025 @ 7.20 pm**

गोंयच्या शाळांनी आनी म्हाविद्यालयानी उद्देगीक सुरक्षिततायेचे प्रशीक्षण दीवपी **skill on wheels** ह्या विशयाचो तरणाट्यांक उद्देगीक मळार काम करतना फायदो जातलो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

गोंय मनरिजवण सोसायटी, भौशीक भलायकी दंतचिकित्सा विभाग, आणी गोंय दंत महाविद्यालय आनी हॉस्पिटल हांच्या जोडपालवान **31** मे क सातवो गोवा तंबाखू विरोधी फिल्म महोत्सव आयोजीत केला

कुंकळ्ळी मतदारसंघातल्या चांदर हांगा नवे पुलीस स्टेशन सुरु करतले

वास्को शारां भितर पे पार्कींग करपाक राज्य सरकाराची मान्यताय

तीसरे **Goa cashew Fest 25-27 april** क पणजे जातले

गोंयच्या शाळांनी आनी म्हाविद्यालयानी उद्देगीक सुरक्षिततायेचे प्रशीक्षण दीवपी skill on wheels हो विशय चालीक लायला.हाचे खातीर सरकारान 2 कोटी रूपयाची ह्या अर्थसंकल्पात तजवीज केला.गोंयच्या तरणाट्यांक ह्या विशयाचो उद्देगीक मळार काम करतना फायदो जातलो अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

गोय राज्याचे पयले occupational safety and health expo and summit चे उक्तावण आयज ताळगांव श्यामा प्रसाद मुर्खजी सभाघरात मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले.ह्यावेळार कारखानो आनी बाश्पक खात्याचे मंत्री निळकंठ

हळर्णकार, संजीत रोड्रीगीस, संचालक अनंत पांगम तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. 10-12 एप्रील ह्या काळात चलपी ह्या कार्यावळीत उद्देग मळार सुरक्षिततायेच्या नदरेतल्यान कीते उपाययेवजण करप,ते खातीर लागपी आधुनीक माखना,नवे तंत्रज्ञान,तशेंच ह्या मळावेल्या तज्ञांची मार्गदर्शन सत्रा जातली.ह्या कार्यावळीत गोंयासयत हरयाणा, महाराष्ट, कर्नाटका राज्यातल्या उद्देगीक कंपनीच्या प्रतीनीधीनी आनी गोयच्या तांत्रीक शिक्षण घेवपी विद्यार्थ्यांनी वाटो घेतला. ह्या समीटाचो लाव उद्देगासयत भलायकी,खण वेवसाय बांधकाम क्षेत्र,शिक्षण तशेंच हेर मळाकुय जातलो अशे मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी म्हळा.

लघु उद्योग भारती गोंय फाटो आनी पेडणेची संत सोहीरोबानाथ अंबीये म्हाविद्यालयामदी आयज 4 नवे अभ्यासक्रम शिकोवपाखातीर कबलात जाल्या.Bachlor of business administration (BBA), Bachlor of science in biotechnology, bachelor of science in psychology, in sports and bachlor of science in excersice science हे नवे अभ्यासक्रम ह्या म्हाविद्यिलयात उपलब्ध जातले. 11april सांवन गोय शिक्षण संचालनालयाच्या e- samarth portal website चेर ह्या अभ्यासक्रमाखातीर अर्ज स्वीकारतले,जाल्यार ह्या अभ्यासक्रमावीशी चड म्हायती संबंधीत portal चेर उपलब्ध आसा अशे शिक्षण संचालनालयान कळीत केला.

गोंय मनरिजवण सोसायटी, भौशीक भलायकी दंतचिकित्सा विभाग, आणी गोंय दंत महाविद्यालय आनी हॉस्पिटल हांच्या जोडपालवान 31 मे क सातवो गोवा तंबाखू विरोधी फिल्म महोत्सव आयोजीत केला. तंबाखूच्या वापराचो आनी ताचे वायट परिणामांचो संदेश पातळावपा खातीर एड फिल्मांची निवड करप आनी तशेंच गोंयांत तोंडाचो कॅन्सर आनी काळजाच्या दुयेंसांचें प्रमाण उणें करपाच्या हेतान ह्या महोत्सवाचे आयोजन केला. ह्या महोत्सवात फील्म करपाक इत्सुक आशील्ल्यानी 18 एप्रीलमेरेन अर्ज भरून गोंय मनरीजवण संस्थेकडे दीवचे अशे आयोजकांनी कळीत केला.हे वीशी चड म्हायती गोय मनरीजवण संस्थेच्या संकेतस्थळाचेर उपलब्ध आसा.

रेल्वे प्रवास करताना रेल्वे कायद्याप्रमाण सिगार वा विडी ओडप तसेच थुंकपाचेर बंदी आसा. अशे तरेचो गुन्यांव केल्ल्या वट्ट ४६४ जाणांचेर कोकण रेल्वे पुलिसांनी जानेवारी ते एप्रिल या पयल्या चार म्हयन्यांत कारवाय केल्या. कोंकण रेल्वेचे पोलीस निरीक्षक सुनील गुडलर हांणी ही म्हायती दिली. गुन्यांव केल्ल्या कडल्यान ह्या चार म्हयन्यात वट्ट ४६ हजार ४०० रुपयांचो दंड वसूल केला अशें तांणी सांगलें. फाटल्या वर्सा पुराय धा म्हयन्यांत वट्ट २ हजार ४४४ लोकांचेर अशी कारवाय केल्ली. प्रवाशांनी ह्या कायद्याक पाळो दिवन पुलिसांक सहकार्य करचे अशें पोलीस निरीक्षक सुनील गुडलर हांणी सांगलें.

साश्ट तालुक्यातल्या कुंकळ्ळी मतदारसंघातल्या चांदर हांगा नवे पुलीस स्टेशन सुरु करपाचे आसात. चांदर हांगा सध्या पुलीस चौकी आसा. ह्याच पुलीस चौकीचे रुपांतर पुलीस स्टेशनात करपाचो निर्णय सरकारान घेतला. चांदर गावात लोकवस्ती वाडल्या आनी ह्या गावासावन मायणा-कुडतरी पुलीस स्टेशन हे ९ कि.मी. पयस आशिल्ल्यान चांदरांत पूर्णवेळ पुलीस स्टेशन सुरु करचे अशी मागणी ह्या आदी आलेमाव हांणी विधानसभेत केल्ली. चांदर गावाक दायज गांवाचो दर्जो मेळ्ळा. ह्याखातीर ह्या गावाची सुरक्षा यंत्रणा घट करपाची गरज आसा देखून हांगा पुराय वेळ पुलीस स्थानक सुरु करचे अशी मागणी आपणे केल्ली अशें विरोधी पक्ष फुडारी आनी कुंकळ्ळीचे आमदार युरी आलेमाव हांणी आयज ह्या सुवातीची पळोवणी केले उपरांत सांगलें. तांचे वांगडा मायणा कुडतरीचे पोलीस निरीक्षक अरुण देसाय तसेच चांदर पंचायतीचे पंचवांगडी हाजीर आशिल्ले.

वास्को शारां भितर पे पार्कींग करपाक राज्य सरकाराची मान्यताय मेळिल्ल्यान पार्कींग फी घेवपाक आता सुरवात करतले अशी म्हायती मुरगावचे नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार हाणी दिल्या. मुरगांव पालिका मंडळाच्या कांय म्हयन्यां फाटी जाल्ले बसकेंत वास्को शारां भितर पे पार्किंग सुविधा लागू करपाचें थारावन ते

खातीर शारांतल्यो चार सुवातो वेचून काडिल्ल्यो. पालिकेन उपरान्त हो प्रस्ताव मान्यताये खातीर सरकाराकडे धाडून दिल्लो. आयज वेचून काडिल्ल्या सुवातेंचेर लायनी मारपाचें मारपाचें काम पुराय केला. पे पार्किंग सुरू केल्ल्यान पालिकेच्या येणावळीन वाढ जातलीच पुण तेच बरोबर पार्किंग करताना एक तरेची शिस्त येतली अशे  म्हा नगराध्यक्ष गिरीश बोरकार उलयले.

तीसरे Goa cashew Fest 25-27 april क पणजे दयानंद बांदोडकार मैदानाचेर जातले अशी म्हायती रान म्हामंडळाची अध्यक्ष देवीया राणे हीणे दील्या.तशेंच गोंयच्या काजुच्या बीयेक ह्या म्हयन्याभीतर GI tag मेळपाचो आसा अशीय म्हायती ताणी दील्या. काजुची पिकावळ घेवपी शेतकार तशेंच काजुच्या फळा पासत आनी बीया पासुन आप मजत गटाची बायला तयार करपी खाणाचे जिन्नस,काजुची फेणी तशेंच हुर्राक उद्देजक,काजुच्यो बीयो विकपी वेवसायीक तशेंच गोयच्या काजुची रूच चाखपाक आयील्ले खव्वयांक काजु महोत्सवाचो आनंद लुटपाक मेळटलो अशे देवीया राणे हांणी सांगला.ह्या महोत्सवात काजुच्या रोपाची लागवड,मशागत, वेवसायाच्यो संद हे वीशी ह्या महोत्सवात खासा मार्गदर्शन सत्रां जातली.तशेंच महोत्सवा वेळार काजुची उत्पादना विकपी 50 दालना आसतली,तशेच गोंयच्या कलाकारांच्यो आनी हेर  कलाकारांच्यो सांस्कृतीक कार्यावळी ह्यावेळार जातल्यो अशी म्हायती देवीया राणे हाणी  दील्या.

मांगीरीश युथ क्लब, मंगेशी ह्या संस्थेन आयोजीत केल्ल्या १५ व्य नामनेचे संगीतकार मास्टर दिनानाथ मंगेशकर, पं. जितेन्द्र अभिषेकी आनी सर्गेस्त दामजीमाम मंगेशकर हांच्या यादीक ओपील्लो मांगिरीश संगीत महोत्सव फाल्या मंगेशीत जातलो. ह्या मांगिरीष संगीत महोत्सवात मास्टर दीनानाथ मंगेशकर हांणी गायील्या, पंडित जितेंद्र अभिषेकी हांणी संगीतबद्ध केल्ल्या आनी गायील्ल्या आनी दामजीमाम मंगेशकर हांणी पेटयेचेर वाजयल्ल्या गाण्यांची एक अप्रुप कार्यावळ आसतली अशी म्हायती आयोजकांनी दिल्या. षडज् मंगेशाचा ह्या कार्यावळींत बंदिश, नाट्यगीतां, भावगीतां, भक्तिगीतां भजन, लावणी, कव्वाली आनी

जुगलबंदीन नटील्लो संगीत महोत्सव फाल्यां सांजे ६ वरांचेर सुरू जातलो. मुग्धा गांवकर आनी विश्वजीत मेस्त्री हे गायक कलाकार तांतूत वांटेकार जातले.

स्वामी विवेकानंद कॉलेज ऑफ कॉमर्स, बोरी फोंडा हांगा वर्सुकी इनाम वितरण सुवाळ्यात फाटल्या वर्सा शिक्षणीक, खेळां, आनी अभ्यासक्रमा भायल्या कार्यावळींनी केल्ल्या उत्कृश्ट कामगिरी खातीर विद्यार्थ्यांचो  भोवमान केलो.

ह्या सुवाळ्याचें उक्तावण प्राचार्य डॉ.शेखर सावंत हांणी केले. हाचे उपरांत कॉलेजीच्या विद्यार्थ्यांनी सांस्कृतीक कार्यावळ सादर केली. स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसाक मंडळाचे अध्यक्ष प्रकाश प्रभु, थळाव्या वेवस्थापन समितीचे अध्यक्ष मीनानाथ उपाध्ये, गोंय विद्यापिठाचे प्राध्यापक डॉ सुंदर धुरी आनी पत्रकार रमेश वंसकार सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले. मुखेल सोयरो गोंय विद्यापिठाचे निबंधक प्राध्यापक डॉ सुंदर धुरी हांणी विद्यार्थ्यांक सगळ्या मळार उत्कृश्टताये खातीर यत्न चालू दवरपाचे  आवाहन केले. हे निमतान 2023-2025 वर्साचो कॉलेज लायब्ररी ब्रोशराचो  तिसरो खंड उजवाडायलो. दर एका विभागांतले पयले सुवातेर आशिल्ले विद्यार्थी, आंतर-कॉलेजीय  सर्तींतले  जैतिवंत, आनी  समाजसेवेच्या  कार्यावळींनी योगदान दिवपी उत्कृश्ट विद्यार्थ्यांक पुरस्कार आनी प्रमाणपत्रां भेटयलीं.

मडगावच्या पिंपळकट्टा आनी रोपा आळ ह्या वाठारांत वेपाऱ्यांनी जी अतिक्रमणां केल्यात ताच्या आड मडगाव नगरपालिकेन पालिका बाजार निरिक्षक जुझे फुर्तादो हांच्या फुडारपणा खाला नगरपालिका सुपरवायझर आनी कामगारांनी आयजसावन कारवाय सुरु केली. फुटपाथ आडावपी वेपाऱ्यांक फुर्तादो हांणी फुटपाथावयलो आपले सामान काडपाचो आदेश दिलो. ह्या फुडे अशी अतिक्रमणा चालू दवरल्यार फुटपाथांचेर दवरिल्लो माल पालिका जप्त करतली अशी शिटकावणी तांणी दिली. मडगांवांत वाडील्या अतिक्रमणां, आपलीं दुकानां सोडून दुकानां भायर व्हड प्रमाणांत विकपाक दवरीलया मालक लागून  फुटपाथां वयल्यान चलपाक लोकांक आडखळ

जाता अशीं अतिक्रमणां सोंसचे नात अशी खर शिटकावणी नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हांणी दिली.

तापमान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान **35** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **25.8** डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली **आरद्रता 70 %** नोंद जाला**.** राज्यात फुडले चार दिस **35-26** डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस हवामान वताळ आसले तरिय काय दुर्गम वाठरांनी दमट उष्ण तापमान आसू येता **.** वारे वराक **35** ते **45-55** किलो मिटर वेगान व्हावतले देखून नुसते मारानी खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला

दिवचल तालुक्यातल्या शिरगाव हांगा आशिल्ल्या श्री लयराय देवीच्या दोन मे 2025 क जावपी जत्रेची तयारी नेटान चालू आसा अशे देवस्थानचे अध्यक्ष दीनानाथ गावकर हाणीं सांगले. ही जात्रा गोंय महाराष्ट्र तशेच कर्नाटक या भागातल्या भाविकांसाठी खूप महत्त्वाची. शेकड्यांनी देवीचे धोण हे जात्रेक दर वर्सा येतात. देवळाक रंग दिवपाचे काम, देवीचे पवित्र होमखण, त्या होमखणात आंगवणींचे भरे वडोवपाचे काम. तशेंच देवीची तळी, मुड्डेर देवीच्या अदिस्थानार तसेच हेर सगळ्या पवित्र सुवातांनी साफसफाई रंगरंगोटीचे काम नेटान सुरू आसा. दुकानांखातीर जागो आरक्षित करून दिवपाचे काम रोखडेच सुरू जातले अशे अध्यक्ष दिनानाथ गावकर हाणीं सांगलें .

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. यांचे

नमस्कार